**गोवा कोंकणी अकादेमी**
**पणजी - गोंय.**

## येवजणेचें नांव : प्रतिभा - सन्मान ( प्रकाशन - पालव )

**अर्जीपत्र (2023-2024)**

1. पुस्तकाचें नांव :------------------------------

2. लेखकाचें नांव - पत्तो :------------------------------

------------------------------

3. फोन नंबर/मोबायल नं. :------------------------------

4. प्रकाशकाचें नांव - पत्तो आनी :------------------------------

फोन नंबर/मोबायल नंबर :------------------------------

5. पुस्तकाचें मोल रु. :------------------------------

6. पुस्तकाचे उजवाडावणेची तारीख/ :------------------------------
वर्स( आवृत्ती पयली/दुसरी )

7. साहित्याचो प्रकार :------------------------------

हांवें हें येवजणेचे नेम वाचल्यात, ते म्हाका मान्य आसात.

तारीख : ---------

--------------
अर्जदाराची सय

( पुस्तकां पावपाची निमणी तारीख : 5/10/2023 )

अर्जाच्या सांगाताक जोडल्यांत :
1. पुस्तकांच्यो तीन प्रती ( 3 )
2. छापखान्याचें बील

---

– कार्यालयाखातीर –

# गोवा कोंकणी अकादेमी

**पणजी- गोंय**

## प्रकाशन- पालव ( प्रतिभा- सन्मान)

येवजणेचें वर्स - 2023- 2024

येवजणेचो उद्देस - कोंकणी पुस्तक प्रकाशनाक उत्तेजन दिवप

**येवजणेचे नेमः**

1) ही येवजण देवनागरी तशेंच रोमी लिपींतल्या सगळ्या प्रकारांच्या कोंकणी पुस्तकांक लागू जाता.

2) ही येवजण कोंकणी पुस्तक उजवाडावपी गोंयांतल्या तशेंच गोंया भायल्या प्रकाशकां खातीर उक्ती आसा. पूण हे येवजणेखातार गोंयांतल्या प्रकाशकांक पयलें प्राधान्य दितले.

3) पुस्तक **1 जानेवारी 2021 ते डिसेंबर 2022 मेरेन** प्रकाशीत जाल्लें आसूंक जाय.

4) अकादेमीन तयार केल्ल्या नमुन्यांत हे येवजणेचो अर्ज भरुन दिवचो पडटलो. अर्जावांगडा पुस्तकाच्यो 3 प्रती जोडच्यो पडटल्यो.

5) अकादेमीन नेमिल्ले निवड समितीमुखार पुस्तक वतलें आनी समितीचे शिफारशी प्रमाण पुस्तकाच्यो प्रती विकत्यो घेतले.

6) हे येवजणेखाला अकादेमी रु. 20,000/- रक्कमे मेरेनच्यो ( उण्यांत उण्यो 25 आनी चडांत चड 100 प्रती) पुस्तकाच्यो प्रती विकत्यो घेतली. प्रकाशकान अकादेमीक हीं पुस्तकां 25% सवलतीच्या दरांत वा पुस्तक निवड समिती थारायता त्या दरात दिवचीं पडटलीं.

7) हे येवजणेखाला एका प्रकाशकाच्यान वयल्या नेमांत बसपी कितल्याय पुस्तकां खातीर अर्ज करुं येता.

8) सरकारी खातीं वा संस्थां, निम सरकारी संस्था आनी शिक्षणीक संस्था हाणीं उजवाडाक हाडिल्लीं पुस्तकां, सरकारी संस्थेचो अर्थीक पालव लाबिल्लीं पुस्तकां, अनुदानीत तशेंच जायराती घेवन छापिल्लीं पुस्तकां हें येवजणेखाला घेवचे नात. ह्या नेमाक खंयचीच पुस्तकां आडवाद आसचीं नात.

9) हे येवजणेखाला खंयच्याय पुस्तकाची फक्त पयलीच आवृत्ती घेतले.

11) पुस्तकाचेर ' वर्साप्रमाण मोल ' छापिल्लें आसत जाल्यार ज्या वर्सा तें पुस्तक उजवाडाक आयलां, त्या वर्साच्या मोलानूच तें पुस्तक अकादेमी विकतें घेतली. मूळ मोल दसयिल्लें आसूंक फावना, सारखें छापिल्लेंच आसपाक जाय.

12) पुस्तकाचें मोल चड दिसलें जाल्यार अकादेमीच्या नेमाप्रमाण मोल थारावन, तशी सूट मागून प्रती विकत्यो घेवपाचो वा प्रकाशकाक ते मान्य नासल्यार थारायिल्ल्या प्रतींचे संख्येंत उणाव करपाचो अधिकार अकादेमीक आसतलो.

13) हें येवजणेंत पाठ्यपुस्तकां विकतीं घेवचे नात.

14) हें येवजणेखाला अर्जावांगडा अकादेमीक दिल्ल्या पुस्तकाच्यो तीन प्रती प्रकाशकाक परत मेळच्यो नात.

15) ही येवजण फक्त प्रकाशकांखातीर आशिल्ल्यान बील प्रकाशनाच्या नांवार वा जे संस्थेन पुस्तक छापला तिच्या नांवान सादर करचें पडटलें. हेर कोणाच्याय व्यक्तीगत नांवान आयिल्लें बील अकादेमी स्विकारचीना.

16) बील फारीक करतना अकादेमी एक तर प्रकाशन संस्थेच्या नांवान चेक काडटली वा पुस्तकाचेर प्रकाशक म्हण व्यक्तीचें नांव आसा, ते व्यक्तिच्या नांवान चेक काडटली. (प्रकाशक म्हण एकापरस चड व्यक्ती आसल्यार अकादेमी प्रकाशन संस्थेच्या नांवाचेर चेक काडटली.)

17) वयलो खंयचोय नेम बदलपाचो वा नवो जोडपाचो अधिकार अकादेमी राखून दवरतां.

*****